Panaji National 13th May 2026 8.40am

कथित नीट पेपरफुटी प्रकरणांत CBI न केस नोंद केल्या; वेगवेगळ्या राज्यांतल्यान जायत्या दुबावितांक ताब्यांत घेतल्यात.

तमिळनाडूंत AIADMK पक्ष फुटलो; ३० आमदारांचो व्हड गट विजय हांच्या टीव्हीके सरकाराक तेंको दितलो; आज बहुमत चाचणी.

भारतांत फाल्या सावन दोन दिसांची ब्रिक्स परराश्ट्र मंत्र्यांची बसका जातली.
भारतंत ह्या वर्सा नैऋत्य  मानसून ह्या सप्तकांत पाववंक शकतात.
आयपीएल क्रिकेटांत आज रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू कोलकाता नाईट रायडर्स आड खेळटले.

CBI NEET – 150
CBI म्हणजेच केन्द्रीय तपास ब्युरोन, NEET-UG 2026 परिक्षेंत जाल्ल्या कथित पेपर फुटी प्रकरणांत केस नोंद केला. शिक्षण मंत्रालयाच्या उच्च शिक्षण विभागान दिल्ल्या लेखी कागाळीचेर आदारून संस्थेन ही केस नोंद केल्या. ह्या प्रकरणाची चवकशी करपा खातीर सीबीआयचे खाशेले पंगड स्थापन केल्यात आनी तांकां वेगवेगळ्या सुवातांचेर धाडल्यात अशें CBI न सांगलां. नॅशनल टेस्टिंग एजन्सीन (NTA) ह्या म्हयन्याच्या ३ तारखेर NEET-UG 2026 परिक्षा घेतली.

ह्या प्रकरणांत राजस्थान पुलीस स्पेशल ऑपरेशन्स ग्रुपान (SOG) आतां मेरेन १५ जाणांक ताब्यांत घेतल्यात.

ह्या पयलीं, ७ मे दिसा राजस्थान पुलीस SOG न डेहराडूनांतल्यान पांच जाणांक अटक केल्ली, तातूंत सीकर हांगाचो करिअर समुपदेशक राकेश कुमाराचो आस्पाव आशिल्लो.

नवी दिल्लींत NEET परिक्षा रद्द करपा विशीं जाल्ल्या पत्रकार परिशदेंत उलयतना NTA चे महासंचालक अभिषेक सिंग हांणी सांगलें , ह्या पेपर फुटी प्रकरणांत जे

कोण आस्पावतात तांकां धरतले आनी बंदखणींत धाडतले. तांणी सांगलें की NTA विद्यार्थ्यां खातीर परत परिक्षा घेतले आनी ती पारदर्शक रितीन जातली. तशेंच, हे परत परिक्षे खातीर खंयचेच अतिरिक्त शुल्क घेवचे नात.

TN – 140
जोसेफ विजय हांच्या फुडारपणाखालच्या नव्या वेंचून आयिल्ल्या TVK सरकाराच्या आज जावपा आशिल्ल्या विश्वास मता पयलीं तमिळनाडूंतली राजकीय परिस्थिती नाट्यमय जाल्या. सरकाराक समर्थन दिवपाच्या विशयाचेर ऑल इंडिया अण्णा द्रविड मुन्नेत्र कळघम (AIADMK) पक्षाचे दोन फांटे जाल्यात. आदले मुख्यमंत्री आनी पक्षाचे सरचिटणीस एडापाडी के. पलानीस्वामी हांच्या गटान पक्षाच्या आमदारांक टीव्हीके सरकाराक समर्थन करू नाका अशे आदेश दिल्यात. पक्षाच्या 'व्हिप'चें उल्लंघन करपी खंयच्याय आमदाराक पक्षांतल्यान काडून उडयतलें, अशी शिटकावणी पक्षाचे वरीश्ठ फुडारी एग्री कृष्णमूर्ती हांणी दिल्या.

मजगती, ३० आमदारांचो तेंको आशिल्ल्याचो दावो करपी एका गटान एस. पी. वेलुमणी हांची AIADMK विधीमंडळ पक्ष फुडारी म्हूण निवड केल्या. आदले मंत्री सी. व्ही. षणमुगम हांच्या घरा जाल्ल्या बसके उपरांत ह्या गटाच्या फुडाऱ्यांनी पत्रकारांची भेट घेतली. हो गट विश्वास मता वेळार टीव्हीके सरकाराक तेंको दितलो अशें शनमुगामी हाणी जाहीर केलें. तशेंच आपल्या पक्षांतल्यान काडून उडयल्ल्या अम्मा मक्कल मुनेत्रा कळघम'चे एकलोच आमदार एस. कामराज हांचोय तेंको सरकाराक मेळ्ळा.

TN reshuffle – 80
तमिळनाडूचे मुख्यमंत्री जोसेफ विजय हांणी राज्य सरकारातल्या IAS अधिकाऱ्यांची फेरबदल केल्या, जातूंत आदले मुख्य सचिव एन. मुरुगानंदन आनी अर्थ सचिव टी. उदय चंद्रन हांचो आस्पाव आसा. मुख्यमंत्री कार्यालयांत ज्योतिषी रिक्की राधन पंडित हांची 'ऑफिसर ऑन स्पेशल ड्युटी' आनी राजकीय शाखा सचिव म्हूण केल्ल्या नेमणुकेक लागून मित्रपक्षांनी टीका केल्या.

काँग्रेस खासदार शशिकांत सेंथिल आनी जोती मणी हांणी ह्या नेमणुकेचेर प्रश्नचिन्ह उपस्थित केल्यात, जाल्यार CPI-M राज्य सचिव पी. शणमुगम हांणी सांगलें, हो निर्णय वैज्ञानिक विचारसरणीक उर्बा दिवपाच्या सरकारच्या जापसालदारकेच्या आड आसा.

Loksabha Speaker – 70
लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला हांच्या फुडारपणा खाला आयज सावन उच्च पांवड्यावेलें भारतीय संसदीय शिश्टमंडळ भूतानाक भेट दितलें. 51 वांगड्याच्या ह्या शिश्टमंडळांत राज्यसभा आनी लोकसभेचे खासदार तशेंच परराष्ट्र मंत्रालयाचे अधिकारी आसात. भारत-भूतान संबंद आनीक घटमूट करप हो ह्या भोंवडेचो मुखेल उद्देश आसा. हें प्रतिनिधीमंडळ भूतान-भारत संबंदांच्या वेग वेगळ्या आंगांचेर आनी दोनूय शेजारी देशां मदले सहकार्य वाडोवपाच्या उपायांचेर चर्चा करतलें अशी अपेक्षा आसा. ह्या भोंवडेत प्रतिनिधीमंडळ भूतानाचे राजा आनी भूतानाचे प्रधानमंत्री हांचीय भेट घेतलें.

BRICS – 160
भारतांत ह्या म्हयन्याच्या 14 आनी 15 तारखेक ब्रिक्स परराश्ट्र मंत्र्यांची बसका जातली. हे बसकेची यजमानकी परराश्ट्र मंत्री डॉ एस जयशंकर चलैतले. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी सांगलें, ब्रिक्साचे परराश्ट्र मंत्री तसेच सदस्य आनी भागीदार देशांच्या शिष्टमंडळांचे मुखेली हे बसकेंत वांटो घेतले. हे प्रतिनिधी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचीय भेट घेतले अशें तांणी मुखार सांगले. हे बसकेंत ब्रिक्स वांगडी देशांचे परराश्ट्र मंत्री परस्पर हिताच्या जागतीक आनी प्रादेशिक मुद्यांचेर विचारविनिमय करतले अशें जयसवाल हांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या संयुक्त अरब अमिरातीच्या भोंवडेविशीं उलयतना, जैसवाल हांणी सांगलें की ह्या भोंवडेंत ऊर्जा सुरक्षा चेर चर्चा जातली. 'ऑपरेशन सिंदूर' वेळार चीनान पाकिस्तानाक फाटबळ दिल्ल्याच्या खबरांविशीं विचारिल्ल्या एका प्रस्नाक जाप दितना जैसवाल हांणी सांगलें की, ह्यो खबरो पयलीं सावन ज्ञात

आशिल्ल्या गजालींक पुश्टी दतात. तांणी सांगलें की, पहलगाम हांगा जाल्ल्या दहशतवादी हल्ल्यांक 'ऑपरेशन सिंदूर' हो एक अचूक, नेमस्त आनी योग्य रितीन दिल्लो प्रत्युत्तर आशिल्लो. नेपाळा कडेन भारताच्या संबंदा विशीं उलयतना जयसवाल हांणी सांगलें, आतां दोनूय देश आपली भागीदारी आनीक खोल करपा खातीर लागींच्यान वावुरतात.

GDP date – 70
सरकारान वर्सुकी सकल देशी उत्पादन (GDP) चे तात्पुरते अदमास आनी चवथ्या तिमाहीच्या GDP चे अदमास जाहीर करपाची तारीख बदलून, मे म्हयन्याच्या निमाण्या कामाच्या दिसा बदला आतां दरेक वर्सा ७ जून अशी थारायल्या. जर ७ जूनाक सुटी आसत, तर हे तात्पुरते अदमास ताच्या आदल्या कामकाजाच्या दिसा जाहीर करतले अशें सांख्यिकी आनी कार्यक्रम अंमलबजावणी मंत्रालयान सांगलें. राश्ट्रीय लेखा सांख्यिकीच्या सल्लागार समिती कडेन योग्य विचारविनिमय केल्ल्या उपरांतच उजवाडावपाच्या वेळापत्रकांत हो बदल केला.

Mansarovar – 30
कैलाश मनसरोवर यात्रा 2026 खातीर नोंदणी बेगीन बंद जावपाची आसा अशें परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलें. सोशल मिडियाचार केल्ल्या पोस्टांत मंत्रालयान इत्सूक उमेदवारांक ह्या म्हयन्याच्या 19 तारखे आदीं यात्रा खातीर अर्ज करपाक सांगला.

IMD – 80
भारतंत ह्या वर्सा नैऋत्य  मानसून ह्या सप्तकांत पाववंक शकतात. हवामान खात्या प्रमाण नैऋत्य monsoon  येवपा खातीर परिस्थिती अनुकूल आसा. ह्या सप्तकाच्या शेवटाक दक्षिण बंगालचो उपसागर, अंदमान समुद्र आनी अंदमान-निकोबार जुंव्यांच्या कांय वाठारांनी मानसून पावंक शकता. हवामान विभागान माहिती दिल्या की दक्षिण-पश्चिम बंगालच्या उपसागराचेर तयार जाल्लो उण्या दाबाचो पट्टो काल लेगीत थंयच आशिल्लो, आनी ताच्या  संबंधित चक्रीय वाऱ्यांची स्थिती सरासरी समुद्रसपाटीपासून ४.५ किलोमीटर उंचीपर्यंत विस्तारलेली आसा.

हवामान खात्या प्रमाण, दर वर्सा नैऋत्य मान्सून चड करून १ जूनच्या सुमाराक केरळांत पावता.

IPL – 40
आयपीएल क्रिकेटांत, काल रातीं अहमदाबादांत जाल्ल्या खेळांत गुजरात टायटन्सान सनरायझर्स हैदराबादचेर ८२ धांवड्यांनी जैत मेळयलें. ह्या जैता बरोबरच गुजरात टायटन्सान पयली सुवात मेळयली. आज, रायपुरांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू कोलकाता नाईट रायडर्स आड खेळटले. हो खेळ सांजवेळार ७:३० वरांचेर सुरू जातलो.

Announcement – 100
आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा - 403001 हांगा सादर करचो. निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा दोन पांवड्यार जातली. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.